Panaji Regional 26th July 2025 7.20pm

Goa Governor – 205

गोंयचे नवे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांचो सोपूतविधी सुवाळो आयज सकाळीं दोना पावला राजभवनाच्या नव्या दरबार हॉलांत जालो. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोय खंडपीठाचे मुख्य न्यायाधिश आलोक आराधे हांणी पुसापती अशोक गजपती राजू हांका गोंयच्या राज्यपाल पदाचो सोपुत दिलो.

सोपुतविधी सुवाळ्याक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री के. राममोहन नायडू, केंद्रीय उर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद नाईक, आंद्रप्रदेश विधानसभेचे सभापती चिंताकयाला आय्यान्नापत्राडू, आंद्रप्रदेशच्यो महिला आनी बाल कल्याण मंत्री श्रीमती गुमिदी संध्या रानी, राज्यसभा खासदार सदानंद शेट तानावडे, गोंय मंत्रीमंडळातले वांगडी, खासदार, आमदार आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी राजकीय मळार अनेक पदांचेर वावर केल्लो आसून 2014 ते मार्च 2018 मेरेन ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मंत्रीमंडळात केंद्रीय नागरी उड्डान मंत्री आशिल्लें. ताचे पयली 1978 त ते आंद्रप्रदेशच्या विजिनगर मतदारसंघाचे आमदार आशिल्लें. शिक्षणीक उदरगती खातीर तांच्या बापायन 1958 वर्सा स्थापन केल्ल्या महाराजा अलक नारायण कला आनी विज्ञान संस्थेचे ते अध्यक्ष आशिल्लें.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी राज्यपालांच्या नियुक्तिच्या जारी केलल्या आदेशाचे वाचन राज्याचे मुख्य सचिव डॉ. व्ही कांदवेलू हाणी केले. त्याउपरांत मुख्य न्यायमूर्ती आराध्ये हाणी राज्यपालांक पदाचो सोपूत दिलो. सोपूत विधी उपरांत राज्य पुलिस दळाच्या वतीन राज्यपालांक मानवंदना दिली. ह्या वेळार उपस्थित मानेस्तांनी नव्या राज्यपालांक शुभेच्छा दिल्यो.

गोंयचें आदले राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांच्या जाग्यार पुसापती अशोक गजपती राजू हांची नियुक्ती जाल्या.

गोंयचो राज्यपाल जावपाची संद म्हाका मेळ्ळी म्हण हांव खोशी,गोयच्या उदरगतीखातीर सरकिर ,प्रशिसन आनी गोयकारांवांगडा काम करपाक म्हाका आवाडटले अशे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपथी राजु हांणी ह्यावेळार म्हणला. जाल्यार राज्यपालाचे राजनितीक मार्गदर्शन गोंय सरकाराक महत्वाचे थारतले अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी सोपुतविधी सुवाळो सोपल्या उपरांत पत्रकारांकडे उलयतना म्हणला.

Kargil Vijay Divas – 130

देशभरात आयज कारगिल विजय दिवस मनयतात. १९९९ वर्सा पाकिस्ताना आड जाल्ल्या कारगिल झुजांत शहीद जाल्ल्या धाडसी सैनिकांच्या उगडासात हो दीस मनयतात. हो दिस कारगिल युद्धात पाकिस्तानविरुद्धच्या 'ऑपरेशन विजयच्या' यशाचे प्रतीक.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज कारगिल विजय दिसा निमतान शूर सैनिकांना श्रद्धांजली ओपली. हो दिस देशाच्या सैनिकांच्या असाधारण शौर्य, धैर्य आणि दृढनिश्चयाचे प्रतीक आसा अशे राष्ट्रपतींनी आपल्या संदेशात म्हळां.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज कारगिल विजय दिवसाच्या निमतान देशवासियांक शुभेच्छा दिल्या.

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी आयज कारगिल दिसा नवी दिल्लींतल्या राष्ट्रीय युद्ध स्मारकाक भेट दिवन 1999 वर्सा कारगिल झुजांत शहीद जाल्ल्या धाडसी सैनिकांक आर्गां ओपली. संरक्षण सचिव राजेश कुमार सिंह, प्रमुख रक्षा अध्यक्ष जनरल अनिल चौहान, लष्कर प्रमुख जनरल उपेंद्र द्विवेदी, हवाई दल प्रमुख एअर चीफ मार्शल एपी सिंग आणि नौदल प्रमुख ॲडमिरल दिनेश के त्रिपाठी हाणीय सैनिकांक आर्गां ओपली.

Vijay Divas Goa – 125

भारत सरकारच्या माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयाच्या केंद्रीय संचार ब्युरो,गोंय हांच्या वतीन आज बांबोळे कुजिरातल्या डॉ. के. बी. हेडगेवार हायस्कूलात एक खासा कार्यावळ आयोजित करून कारगिल विजय दिस मनयलो. ह्या का़्यक्रमांत मेजर आयुष पाठक (5 तंत्रीक प्रशिक्षण रेजिमेंट, बांबोलीम कॅम्प) मुखेल सोयरे आशिल्ले. ह्या वेळार मेजर आयुष पाठक हांणी उपस्थितांक उद्देशून उलोवप केलें. देशाक विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन व्हरपाक विद्यार्थी समाजाची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें.

भारत सरकाराच्या गोंयच्या पत्र सूचना कार्यालयाचे संचालक नाना मेश्राम हाणी ह्या वेळार उलयतना सांगले, भारत सरकारान पुराय  देशभरात आज 26 वो  कारगिल विजय दिवस मनोवपा खातीर वेग वेगळे  कार्यक्रम आयोजित केल्यात. हो  दिस भारताच्या इतिहासातले अभिमानाचे प्रतीक आसा. हेडगेवर हायस्कुलाचे मुख्याध्यपक   विलास सतारकार हांणी गोंयांतल्या केंद्रीय संचारण ब्युरोन कार्यावळीचें आयोजन करपाक दिल्ल्या सहकार्या खातीर तांचे  उपकार मानले.

Rashmi - 120

आतां गोंय राज्यांत तिसरो जिल्हो आसतलो. नव्या जिल्ह्याच्या प्रस्तावाक काल  मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. नव्या जिल्ह्यांत काणकोण, केपे, सांगे आनी धारबांदोडा  चार तालुक्यांतो आसपावीत तिसऱ्या जिल्हयात करतले जाल्यार. नव्या जिल्ह्याचें मुखेल कार्यालय कुडचडे-केपे हांगा आसतलें.

गोंयात  सध्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय अशे दोन जिल्हे आसात,नव्या प्रस्तावाप्रमाण उत्तर गोंय जिल्हयात  तिसवाडी, पेडणे , बार्देश , दीवचल,आनी सत्तरी हे पाच तालुके आसतले, जाल्यार दक्षि गोंयांत  मुरगांव, सासश्टी आनी फोम्या तालुक्याचो आसपाव आसतलो.

द७इम गोंयातल्या गावगिऱ्या वाठारातल्या लोकांक  सरकारी  सेवा बोदेबेग मेळच्या हेतान ,तशेचं  तिसरो जिल्हो  महत्वाचो थारतलो. काणकोण, केपे, सांगे आनी धारबांदोडा   ह्या तालुक्याच्या उदरगतीच्या नदरेतल्यान तिसरो जिल्हो महत्वाचो थारतलो अशे सरकाराचे म्हणणे आसा.

तिसऱ्या जिल्ह्यात  जिल्हो  हॉस्पिटल,तशेंच केळा संकुल आनी शिक्षणिक संस्था बांदपाक  ह्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत काल  मंजुरी दिल्या.

Subhash – 125

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रभावीपणान चालीक लागतलें जाल्यार उच्च शिक्षण आनी वेवसायीक अभ्यासक्रमांतले बदल पालक, विद्यार्थी आनी शिक्षकांनी समजून घेवंचे पडटले अशें डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयाच्यो प्राचार्य Dr. Neena पानंदीकार हांणी सांगलें. गोंय राज्य शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक प्राचार्य आनी विज्ञान शिक्षकां खातीर आयोजीत केल्ले कार्यशाळेंत त्यो उलयताल्यो. फातोर्डा हांगाच्या डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालयाच्या परिशद सभाघरांत आयज ही कार्यशाळा जाली. शाळा वेवस्थापनांत कृत्रीम बुध्दीचो प्रभावी वापर कसो करूं येता हाचेर

किशोर शाह आनी हेरांनी कार्यशाळेत मार्गदर्शन केलें. सांजवेळाच्या सत्रांत शिक्षकांक आनी प्राचार्यांक एआय साधनां विशीं मार्गदर्शन केलें. राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांतले १२० शिक्षक आनी प्राचार्यांनी दीसभर चलपी हे कार्यशाळेंत वांटो घेतलो. फातोर्डा डॉन बॉस्को अभियांत्रिकी महाविद्यालय आनी गोवा राज्य शिक्षक प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेने एकठांय येवन ही कार्यशाळा आयोजित केल्ली.

Ganesh – 95

चवथीक 'राज्य महोत्सव' म्हूण मान्यताय दिवची अशी मागणी गोमंतक मंदीर महासंघान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांकां निवेदन सादर करून केल्या. हे वेळार गोमंतक मंदिर महासंघाच्या शिश्टमंडळांत गणेशपुरी ट्रस्ट बोर्डाची अध्यक्ष सर्वश्री दीपक गोवेकार, सुजन नायक आनी दिनीन पेडणेकार तशेंच गोंय हिंदू युवा शक्तीचे सत्यवान म्हामल आनी हिंदू जनजागृति समिती हांचो आसपाव आशिल्लो. हाचे पयली ताणी  चवथीक 'राज्य महोत्सव' म्हूण मान्यताय दिवपाची मागणी करपी निवेदन वास्कोचे आमदार दाजी साळकार हांकां सादर केलें. तशेच निवेदन मंत्री सुभाष फळदेसाय हांकांय दिला. महाराष्ट्र सरकारान जशें चवथीक 'राज्य महोत्सव' जाहीर केला, तसो निर्णय गोंयांतूय घेवचो अशी मागणी निवेदनांत केल्या.

Rashmi - 65

revenue gap च्या नावान लायटीच्या बीलात वाड  करून वीज खाते सर्वसामान्यांच्या बोल्साक भरमसाठ बीला वाडोवन लुटपाक सोदता असो आरोप गोंय का॑ग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमीत पाटकार हांणी केला. महत्वाचे म्हणल्यार स्वत वीज खात्यान 74 कोटी 82 लाख रूपयाचे स्वतचे लायटीचे बील फारीक करूंक ना ,तशेंच राज्यातल्या वेगवेगळया सरकारी खात्यान मेळुन सुमार  108 कोटी रूपयाचे बील फारीक करूंक ना असो आरोप पाटकार हांणी पणजे का॑ग्रेस हावसात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत केला.